AKASHVANI PANAJI BULLETIN

02-11-2025 @7:20PM

मुखेल खबरो

पत्थर पायातील घ्या पुस्तकाचे प्रकाशन मुखेलमत्री प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले

गोय राज्य सहकारी पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात

आता पुराय खबरो

पत्थर पायातील ' पुस्तक प्रकाशन - मुखेलमंत्री

' पत्थर पायातील ' पुस्तकातल्यान फुडल्या पिळगेक मार्गदर्शक थारचीं अशी चरित्रां लोकांक वाचूंक आनी समजूक उपलब्ध जाल्यात अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगला. ते काल परवरे विद्या प्रबोधिनी महाविद्यालयाच्या प्रांगणात , राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाच्या पूर्णवेळ प्रचारकांच्या कार्याची वळख करपी ' पत्थर पायातील ' ह्या पुस्तकाचे प्रकाशन केल्या उपरांत उलयताले. डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तूकी हो सुवाळो जालो.मुखेलमत्र्यांसयत केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकर , रमेश पतंगे , नरेंद्र सावईकर माचयेर हाजीर आशिल्ले. संघ प्रचारकांनी केल्ल्या व्हड कामाचो आनी त्यागाचो उल्लेख ह्या पुस्तकात वाचपाक मेळटलो अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगले.

## गोवा राज्य सहकारी पुरस्कार 2025

सहकार वाठारांत उल्लेखनीय वावर करून सहकारी चळवळींत म्हत्वाचें योगदान दिवपी व्यक्ती आनी सहकारी संस्थांचो भोवमान करपा खातीर गोंय सरकारान 'गोवा राज्य सहकारी पुरस्कार 2025' खातीर अर्ज मागयल्यात. हे पुरस्कार गोंय राज्य सहकारी पुरस्कार आनी सहाय्य येवजणे खाला दितले, ह्या पुरस्कारांत 'गोवा सहकार रत्न' यादस्तीक आनी 1 लाख 25 हजार रोख, 'गोवा सहकार भूषण' यादस्तीक आनी panchattar हजार, 'गोवा सहकार श्री' यादस्तीक आनी 50 हजार रोख, राज्यांतलो उत्कृश्ट सहकारी संस्था प्रोत्साहन पुरस्कार (सहकारी संस्था) दरेक संस्थे खातीर यादस्तीक आनी सहकार वाठारातल्या ५० व्यक्तींक मजत दिवप हांचो आस्पाव आसा. वेबसायटीचेर तशेंच सहकारी संचालक कार्यालय, सहकार संकुल, पाटो, पणजी तशेंच पणजी, म्हापसा, फोंडा, मडगांव, केपे आनी दिवचल हांगा अर्ज मेळटले

## tourism 110

पर्यटकांच्या जिवाक धोको निर्माण करून चलपी हवाई खेळां खातीर राज्य सरकारान खर नेम केल्यात. नेमाचें उल्लंघन केल्यार 2 लाख रुपया मेरेन दंड भरचो पडूं येता. उपकरणां जप्त करपा वांगडाच परवानोय रद्द जावं येता. पायलट आनी प्रवाशाक उण्यांत उणो 15 लाख रुपया वैयक्तीक अपघात विमो दिवप ऑपरेटर्साक बंधनकारक आसा. हे संबंदी गोंय पर्यटन खात्यान नवे 'गोवा एअरो स्पोर्ट्स नेम 2025' अधिसूचित केल्या. सुरक्षेच्या नेमाचें उल्लंघन केल्यार खर ख्यास्त दिवपाची तरतूद तातूंत आसा. गुन्यांवा प्रमाण आनी परतून परतून तशें

केल्यार 2 लाख रुपया मेरेन दंड, कायम काळया वळेरेंत घालप, उपकरणां जप्त करप आनी नोंदणी वा परवानो रद्द करपाची तरतूद आसा.

## दिव्यांगत्व

दिव्यांगत्व व्यक्ति सशक्तिकरण संचालनालयान दिव्यांग श्रेणींत उत्कृश्ठ मालक, उत्कृश्ठ बिगर सरकारी संस्था, उत्कृश्ठ दिव्यांग व्यक्ती हांका प्रत्येकी एक पुरस्कार आनी उत्कृश्ठ कर्मचारी श्रेणीत चार पुरस्कार हे राज्य पुरस्कार भेटोवपा खातीर दिव्यांग मालक, बिगर सरकारी संस्थां, दिव्यांग व्यक्ती आनी दिव्यांग कर्मचाऱ्यां कडल्यान व अर्ज मागयल्यात.

उत्कृश्ठ दिव्यांग कर्मचारी श्रेणीत दोळयांनी न दिसप, आयकुपाक न येवप आनी शारीरिक दिव्यांग अशा वर्गात प्रत्येकी एक पुरस्कार दितले. रोख 50,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र अशें पुरस्कारांचे स्वरूप आसा.

अर्ज दिव्यांगत्व व्यक्ति सशक्तिकरण संचालनालयांत फुकट उपलब्ध आसात. पुराय भरिल्ले अर्ज राजपत्रीत अधिकाऱ्यान प्रमाणीत केल्ल्या आवश्यक दाखल्यांच्या प्रती सयत ता. 18 नोव्हेंबर मेरेन दिव्यांगत्व व्यक्ति सशक्तिकरण संचालनालयांत पावपाक जाय. हे पुरस्कार 19 डिसेंबरक गोंय मुक्ती दीस सुवाळयात मुख्यमंत्र्याच्या हस्तुकीं भेटयतले

## समाज कल्याण संचालनालया

समाज कल्याण संचालनालया वतीन  अनुसुचीत जाती,  हेर मागास वर्ग आनी अर्थिक मागास समाजातल्या विद्यार्थ्यांच्या फायद्या खातीर राज्य आनी केंद्र सरकार पुरस्कृत येवजणांची अंमलबजावणी करता.  संचालनालयान शिश्यवृत्ती येवजणां खातीर    /cmscholarship.goa.gov.in ह्या शिश्यवृत्ती पोर्टला वयल्यान अर्ज करपाची मुजत 15 नोव्हेंबर मेरेन वाडयल्या.

सगळयो शाळां, संस्थां आनी महाविद्यालयांनी विद्यार्थ्यांच्या अर्जांची तपासणी करून 25 नोव्हेंबर मेरेन खात्याक ऑनलायन  धाडपाक जाय.

वर्गीकृत जातीतल्या विद्यार्थ्यां खातीर MSC आनी HSSC  गुणवत्ता पुरस्कार, धनगर समाजातल्या विद्यार्थ्यां खातीर SSV आनी HSSC गुणवत्ता पुरस्कार, गगन भरारी शिक्षा येवजण, वर्गीकृत जाती आनी ओबीसी समाजा खातीर सरल विद्या सहाय्य येवजण, वर्गीकृत जातीतल्या विद्यार्थ्यां खातीर कन्याधन येवजण, होम नर्सिंग शिक्षण घेवपी विद्यार्थ्यांक शिश्यवृत्ती, अशो येवजण्यो राज्य सरकारा वतीन राबयता तशेंच ओबीसी विद्यार्थ्यां खातीर प्री-मेट्रीक शिश्यवृत्ती ओबीसी/ईबीसी विद्यार्थ्यां खातीर पोस्ट-मेट्रीक शिश्यवृत्ती अशा केंद्र सरकार पुरस्कृत येवजणांची अंमलबजावणी करता.

## Story

गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळाचे अधिकारी/कर्मचारी आशिल्ल्याचे सांगून कांय व्यक्ती गोंयांतले उद्देग आनी  आस्थापनांकडेन संपर्क करतात आनी मंडळा वतीन कारवाय करून तांचे उद्देग आनी आस्थांपनां बंद करपाची शिटकावणी दितात, अशें गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळाच्या नदरेक आयला. मंडळान उद्देग आनी आस्थांपनांच्या मालकांक अशां फटींग मनशां पासून सतर्क रावपाक सांगला.

हे मनीस कारवायेची धमकी दिवन आनी फटींगपणा सांगून लांच मागतात आनी लांच दिली ना जाल्यार मंडळा वतीन कारवाय जातली, अशी धमकी दितात. तशेंच उद्देगांक मंडळा कडल्यान परवानगी मेळोवन दिवपाचे आस्वासन दितात आनी मंडळाच्या बँक खात्याचो नंबर आशिल्ल्याचे सांगून त्या बँक खात्यात परवानो  शुल्क जमा करपाक सांगता.

तशेंच  हे व्यक्ती मंडळाच्या लेटरहेडाचेर बनावट परवानो आदेश आनी हेर दाखलेय उद्देगांक दितात. मंडळाचे कर्मचारी आनी अधिकारी परवानो मेळोवपाक वा अधिकृत दाखले/संमती आदेश जारी करपाक अशा तरेन काम करीनात, अशें मंडळान कळीत केला.

अशां फटींगपणाच्या कारवाया बाबतीत मंडळान आदीच पुलीस अधिकाऱ्यांकडेन कागाळ नोंद केल्ली आसा. तशेंच  लोकांनी अशा फटींग मनशांची म्हायती मंडळाक दिवची.

उद्देगांक  परवान्यां खातीर  अर्ज सादर करपाक मजत करपा खातीर मंडळान एक मजत कक्ष सुरू केल्लो आसा. राज्यांतल्या उद्देगांनी आपले प्रस्न आनी समस्यां खातीर  मजत कक्षाचो मो. नं.9356709461 चेर  संपर्क करपाचो सल्लो मंडळान

दिला. उद्देगीक आस्थापनां आनी सामान्य लोकांनी फटींग व्यक्तींच्या कसल्याय विनंत्याक/फोन कॉल/निर्देशांक बळी पडचे न्हय. तशेंच अशा घडणूकांची कागाळ दक्षता अधिकारी, वरिश्ठ पर्यावरण अभियंता/मंडळाच्या वांगडी सचीव कार्यालय़ा कडेन करची.

## प्री- मॅट्रीक शिश्यवृत्यो

केंद्र सरकारच्या सामाजिक न्याय आनी सबळीकरण मंत्रालयान प्री- मॅट्रीक शिश्यवृत्यो जाहीर केल्यात. शालेय शिक्षण घेवपी अनुसूचीत जाती आनी हेर मागाशिल्ल्या विद्यार्थ्यांनी ह्या येवजणेचो लाव घेवंचो अशें ह्या मंत्रालयान मांगलां. socialjustice.gov.in ह्या संकेत थळार सामाजिक न्याय आनी सबळीकरण मंत्रालयाच्या प्री- मॅट्रीक शिश्यवृत्यांची म्हायती उपलब्ध आसा ताचो सगळयांनी लाव घेवंचो अशें ह्या विशिंच्या पत्रकांत म्हळां.

## Story

आकाशवाणी संगीत संमेलनाच्या ६७ व्या आवृत्तीची सुरुवात आजसावनदिल्ली, मुंबय आणि चेन्नई हांगा संगीत कार्यक्रमांनी जाता. म्हयनोभर चलपी या कार्यक्रमा वेळार देशभरात २४ शरांनी शास्त्रीय संगीताचे कार्यक्रम आयोजित करतले . प्रसार भारती, संस्कृती मंत्रालयाच्या सहकार्यान हे आयोजन केला. माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान सांगले की, १९५४ त स्थापन झाल्यापासून, आकाशवाणी संगीत संमेलन भारतातले सगळयात टिकाऊ आणि आदरणीय सांस्कृतिक परंपरांपैकी एक म्हणून उभे रावले. हिंदुस्थानी, कर्नाटक आणि हलकेफुलके आणि लोकसंगीताचे उत्कृष्ट प्रवाह देशभरातल्या प्रेक्षकां मेरेन पावोवपाक याची संकल्पना केल्या. भारताच्या समृद्ध संगीत दायजाचे जतन, प्रचार आणि

लोकप्रियता वाडोवपाक या संमेलनान महत्त्वाची भूमिका निभायल्या. संमेलनाची माहिती दिताना, प्रसार भारतीचे सीईओ गौरव द्विवेदी म्हणाले की, कोविड-१९ साथीच्या दुयेसान काही काळाखातीर आयिल्या आडमेळी उपरांत  या वर्सा हो भव्य महोत्सव नव्या नेटान परत येता.

## Sports

टेनि सात, दोटटी जोडयेत माजी जागतिक क्रमांक एक रोहन बोपण्णान २० वर्षांच्या कारकिर्दी उपरांत निवृत्तीची घोषणा केली. ४५ वर्षीय भारतीय खेळगड्यान २६ एटीपी दोटरी जेतेपदे जिंकली, ज्यात मॅथ्यू एब्डेन सयत २०२४ तल्या ऑस्ट्रेलियन ओपनचा समावेश आसा, जाका तागुन तो ४३ व्या वर्सा क्रमांक १ र पावपी सगळयात वयस्कर खेळाडू जालो

## Weather

भारतीय हवामान विभागान  आज उप-हिमालयीन पश्चिम बंगाल, सिक्कीम आणि बिहारमध्ये घोग्याच्या पावसाचो अंदाज दिला. भारतीय हवामान विभागाच्या मतान आज ईशान्य भारत, गोवा, मध्य महाराष्ट्र आणि गुजरातए हांगाअशीच हवामान परिस्थिती उरतली.

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट कांय मुखेल खबरो

पत्थर पायातील घ्या पुस्तकाचे प्रकाशन मुखेलमत्री प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले

गोय राज्य सहकारी पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात

आनी इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो आमच्यो मुखावेल्यो खबरो आयका फाल्या सकाळच्या 7.25 मिनटांचेर नमस्कार